24 April 2026 6.30PM

PM Modi on WB

अस्तंत बंगालांत 29 तारखेक जावपी 142 जाग्यांच्या विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या आनी निमाण्या टप्प्याचो प्रचार सुरू आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज पाणीहाटीन भारतीय जनता पक्षाच्या उमेदवारांक तेंको दिवपी रॅलीक संबोधित केलें. पयल्या टप्प्यांत जाल्ल्या मतदानाची संख्या सकारात्मक बदल दाखयता अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

सत्ताधारी तृणमूल काँग्रेस पक्षाचेर बायलां विरोधी पक्ष असो आरोप करून बंगालान आशिल्या 'जंगल राजा' खातीर एका तरणाट्या दोतोर चलियेक मरण आयिल्ल्याचो दावो तांणी केला.

अस्तंत बंगालांत आयुष्मान भारताची अंमलबजावणी तशेंच अन्नपूर्णा भंडार येवजणे खाला बायलांक म्हयन्याक तीन हजार रुपया भत्तो दिवप हांचो आस्पाव आशिल्ल्या भाजपाच्या आश्वासनांचो तांणी परतून उल्लेख केलो.

Raghav Chaddha ( 103)

आम आदमी पक्षाचे राज्यसभेचे तीन खासदार राघव चड्ढा, संदीप पाठक आनी अशोक मित्तल हांणी पक्षांतल्यान भायर सरपाची घोशणा केल्ल्या, तांच्या ह्या निर्णायकलागून आम आदमी पक्षात व्हड आडखळ आयल्या. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना खासदार राघव चढा हांणी आपूण हेर आप खासदारां वांगडा भाजपांत येतले अशें जाहीर केलां. राज्यसभेंतले आपचे दोन तृतियांश वांगडी भाजपांत विलीन जातले अशें आपूण थारायलां अशें चड्ढा हाणी फुडें सांगलें. भ्रश्टाचार सोंपोपाचें उतर दिवन तयार जाल्लो आम आदमी पक्ष आतां भ्रश्टाचारी आनी तडजोड करपी व्यक्तींच्या हातांत आसा असो आरोप चढा हांणी केलो आनी प्रधानमंत्री मोदी हांच्या फुडारपणा खाला देशा खातीर एकठांय येवन वावुरतले अशें तांणी सांगलें.

Amit Shah (68)

अस्तंत बंगालान विधानसभा वेंचणुकेंत पयल्या टप्प्यांत मतदान जाले उपरांत भारतीय जनता पक्ष बळिश्ट कामगिरी करपाचे वाटेर आसा, असो दावो केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी केला.

कलकात्याच्या न्यू टाउनांत पत्रकार परिशदेंत उलयतना तांणी म्हटलें, पयल्या टप्प्यांत वेंचणुकेक गेल्ल्या 152 जाग्यांतल्यान भाजपाक 110 परस चड जागे मेळपाची शक्यताय आसा. पयल्या टप्प्यांत 92 टक्क्यां वयर मतदान जाल्ल्यान मतदारांक परबीं दिवन लोकशाये खातीर हें एक सकारात्मक लक्षण असा अशें  घरमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलें.

LPG Sujata Sharma (74)

देशभरांत देशी एलपीजीची पुरवण सुटसुटीत आसा आनी खंयच्याच वितरकाचेर पुरवण खंडीत जाल्ल्याची म्हायती मेळ्ळी ना अशें सरकारान सांगलां. नवी दिल्लींत जाल्ल्या आंतर मंत्रालयीन पत्रकार परिशदेंत उववप करतना अस्तंत आशियांतल्या बदलत्या परिस्थिती मुखार घरगुती एलपीजीची पुरवण कसलोच व्यत्यय येनासतना चालू उरची हाचे खात्री सरकार प्रयत्न करता अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें. एलपीजी सिलिंडरांची होम डिलिव्हरी करपाच्यो सुविधा सुरु आसा अशें सांगून तांणी गिरायकांक वितरकांच्या दुकानांची गर्दी टाळपाचो सल्लो दिला.

DD Opening- 119

पणजेच्या दूरदर्शन केंद्राच्या प्रादेशिक खबरां विभागांतल्या पॅनेला खातीर निवडप्रक्रिया सुरु जालया. संपादकीय सहाय्यक, वृत्तनिवेदक सीजी संचालक आनी वेब असिस्टन्ट या चार पदांखातीर अर्ज मागयल्यात.

संपादकीय सहाय्यकाची पीराय २५-५० वर्सांभितर आसप गरजेचें असा. तशेंच मान्यताय मेळिल्ल्या विद्यापिठाकडल्यान पत्रकारितेंत पदवी गर डिप्लोमासयत ३ वर्सांचो अणभव गरजेचो असा.

वृत्तनिवेदकाच्या पदाखातीर अर्ज करपी उमेदवाराची पीराय २५-५० वर्सांभितर आसपाक जाय. अर्ज करपी मनशालागी पदवी तशेच कोंकणी भाषेचे ज्ञान आसप गरजेचें असा. सीजी संचालक या पदाखातीर अर्ज करपी उमेदवाराची पीराय २१-५० आसपाक जाय. उमेदवाराचे शिक्षण १२ मेरेन असून ताका कम्प्युटरचे ज्ञान आसपाक जाय.

जल्यार वेब असिस्टंट या पदाखातीर अर्ज करपी अर्जदाराची पीराय २१ -५० वर्स आसची. पत्रकारितेने पदवी तशेंच दृश्य-श्रव्य माध्यमांचो आनी नव्या माध्यम पद्दतींचो अणभव गरजेचो थारतालो. या पदांखातीर अर्ज करपाची निमाणी तारीख ३० एप्रिल २०२६ असा.

Weather ( 18)

भारत हवामान खात्यान सोमारामेरेन राजस्थान, उत्तर प्रदेश, छत्तीसगड, मध्य प्रदेश आनी विदर्भान उश्णतयेची ल्हार येतली असो अदमास काडला.

Sports (23)

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत आयज रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी गुजरात टायटन्स या पंगडांमदी एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमाचेर खेळ जातालो, हो खेळ सांजे ७.३० वारांचेर सुरु जातलो.